राष्ट्रीय खबरो 10.11.2025 @ 8.40 am

- राष्ट्रपती मुर्मू 8 ते 13 नोव्हेंबर मेरेन आंगोला आनी बोत्स्वानाच्या भोंवडेर आसात.
- बिहार विधानसभा वेंचणुकेच्या दुसऱ्या आनी निमाण्या टप्प्याचो प्रचार आयज सांजवेळा सोंपलो
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सावन दोन दिसांच्या भूतान भोंवडेक सुरवात करतले
- पणजे गोंय हांगा सुरु अशील्या 2025 वर्साच्या फिडे बुध्दिबळ विश्वचषक टायब्रेकरांत ग्रॅण्डमास्टर कार्तिक वेंकटरमन ग्रॅण्डमास्टर बोगदान-डॅनियल डीक हाका हारोवन चवथे फेरयेंत पावलो

मुर्मू 140

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांनी लुआंडा हांगा त्यांच्या अंगोलाच्या समपदस्थ जोआओ लोरेन्को हांचेकडे द्विपक्षीय चर्चा केली. ते पयली, लुआंडा हांगा राष्ट्रपती भवनात त्यांचे भव्य औपचारिक स्वागत आणि गार्ड ऑफ ऑनर दिलो. भारत आणि अंगोला मदल्या बहुआयामी भागीदारी अधिक दृढ करपाच्या उद्देशान दोनुय फुडाऱ्यांनी व्यापक चर्चा केली. चर्चे वेळार, राष्ट्रपती मुर्मू यांनी दोन्ही राष्ट्रांच्या सामायिक प्राधान्य आणि पूरकता प्रतिबिंबित करपी विस्तृत क्षेत्रांमदी सहकार्य वडोवपाच्या महत्त्वार भर दिला. संसदीय सर्वोत्तम पद्धतींचे सामायिकरण, शेती - विशेषतः बियाणे आणि खतां - तेल शोध आणि शुद्धीकरण, कनेक्टिव्हिटी आणि येरादारी मुळाव्यो सुविधा, दुर्मिळ पृथ्वी खनिजा आणि हिरे प्रक्रिया यासारख्या क्षेत्रात संभाव्य सहकार्यार त्यांनी उजवाड घालो . राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज लुआंडा हांगाच्या आपल्या राष्ट्रीय सभेंत आंगोलाच्या संसद सदस्यांक संबोधीत करतली. आंगोलांतल्या भारतीय समाजाच्या वांगड्यां कडेनय ती संवाद सादतली.

राष्ट्रपती मुर्मू 8 ते 13 नोव्हेंबर मेरेन आंगोला आनी बोत्स्वानाच्या भोंवडेर आसात. फाल्यां ती आंगोलाच्या 39व्या स्वातंत्र्याच्या 50व्या वर्साच्या उत्सवांत वांटो घेतली

बिहार 170

बिहार विधानसभा वेंचणुकेच्या दुसऱ्या आनी निमाण्या टप्प्याचो प्रचार आयज सांजवेळा सोंपलो. ह्या टप्प्यांत 11 नोव्हेंबराक 20 जिल्ह्यांतल्या 122 विधानसभा मतदारसंघांनी मतदान जातलें.निमाण्या टप्प्यांत 3.7 कोटी वयर मतदार जातुत 136 बायलां सयत 1,302 उमेदवारांचें वेंचणुक भवितव्य थारायतले. काल प्रचाराच्या निमाण्या दिसा वरिश्ठ प्रचारक, स्टार प्रचारक आनी एनडीए, महा आघाडी बंधन आनी हेर पक्षाचे नामनेचे फुडारी जायत्या भौशीक बसकांनी आनी वेंचणुकेच्या रॅलींक उलोवप केले. भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी आनी केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह सासाराम आनी अरवल हांगाच्या भौशीक बसकांनी उलोवप केले. भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी आनी संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग औरंगाबाद आनी कैमूर हांगाच्या दोन बसकांनी उलोवप केले. JDUचे अध्यक्ष आनी मुख्यमंत्री नीतीश कुमार औरंगाबाद, गया आनी कैमूर हांगा जायत्यो वेंचणुकेच्यो रॅली केले. मजगतीं, उत्तर प्रदेशाचे मुख्यमंत्री आनी भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी योगी आदित्यनाथ अररिया, सुपौल आनी मधुबनी जिल्ह्यांतल्या जायत्या भौशीक बसकांक हाजीर आसाले . महा आघाडींतल्यान काँग्रेसीचे वरिश्ठ फुडारी राहुल गांधी पूर्णिया आनी किशनगंजांतल्या भौशीक बसकांनी उलोवप केले. भाभुआ, रोहतास आनी औरंगाबाद हांगाच्या 11 भौशीक बसकांनी RJD फुडारी तेजस्वी प्रसाद यादव भाशण केले. जनसुराज पक्षाचे संस्थापक प्रशांत किशोर, बसपा, IIMIM आनी हेर पक्षांतले स्टार प्रचारकनी प्रचाराच्या ह्या निमाण्या दिसा नेटान वेंचणुक रॅली, भौशीक बसकांनी आनी रोड शोंत वांटो घेतले.

मोदी 90

उत्तराखंड राज्याच्या रुपया महोत्सवानिमित्त, प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी देहरादूनात ₹8,260 कोटींपरस चड किमतीच्या विकास प्रकल्पांचे उक्तावण आणि बुन्याद घाली. हातुंत ₹930 कोटींपरस चड किमतीच्या प्रकल्पांचे उक्तावण आणि ₹7,210 कोटींपरस चड किमतीच्या प्रकल्पांची बुन्याद घालप आसपावता . हे प्रकल्प पिवपाचे उदक, सिंचन, तांत्रिक शिक्षण, ऊर्जा, शारी विकास, खेळा आणि कुशळताय विकास यासारख्या प्रमुख क्षेत्राकडे संबंधित आसात. प्रधानमंत्री फसल विमा योजनेअंतर्गत, प्रधान मंत्र्यानी ₹62 कोटींपरस चड आर्थिक मदत थेट 28,000 परस चड अधिक शेतकऱ्यांच्या बँक खात्यात हस्तांतरित केली. देहरादूनात रान संशोधन संस्था-एफआरआय कॅम्पसात एका मेळाव्यात उलयताना मोदीनी म्हणले की, 9 नोव्हेंबराक हो दिस उत्तराखंडच्या लोकांच्या दीर्घ संघर्ष आणि चिकाटीचे फळ आसा

बुद्‌ध 50

भारतांतल्यान थिंपूक पाविल्ल्या भगवान बुध्दाच्या पवित्र अवशेशांक दिल्या येवकारा बद्‌दल प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी यांनी भूतानच्या जनतेचे आणि नेतृत्वाचे कौतुक केले. सोशल मीडिया पोस्टत मोदीनी म्हणले की, हे अवशेष शांती, करुणा आणि सौहार्दाच्या कालातीत संदेशाचे प्रतीक आसात. भगवान बुद्‌धांची शिकवणी भारत आणि भूतानच्या सामायिक आध्यात्मिक दायजा मदलो एक पवित्र दुवो आसा.

मोदी भूतान 60

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सावन दोन दिसांच्या भूतान भोंवडेक सुरवात करतले. हे भेटी वेळार मोदी आनी भूतानाचे राजा जिग्मे खेसर नामग्याल वांगचुक 1,020 मेगावॅट पुनात्सांगचु-ll जलविद्‌युत प्रकल्पाचें उक्तावण करतले. भारत आनी भूतान संयुक्तपणान हो प्रकल्प विकसित करतात.

भूतानाचे  चवथे राजा जिग्मे सिंग्ये वांगचुक हांच्या 70व्या जयंतीनिमित्त आयोजित कार्यावळीक प्रधानमंत्री हाजीर रावतले  आनी ताच्या समपदस्थ  त्शेरिंग तोबगे हान्चीय भेट घेतले .

असाम 140

राज्य मंत्रीमंडळान बहुपत्नीत्वाचेर बंदी घालपाच्या विधेयकाक मान्यताय दिल्या अशें आसामाचे मुख्यमंत्री हिमंत विश्व सरमा हांणी सांगलें. बहुपत्नीत्वाची प्रथा बेकायदेशीर आनी नष्ट  करपाक  खंयच्याय मनशाचो  पयलीचो  जोडीदार जिवो आसा , कायदेशीर रितीन वेगळें जाले  ना वा घटस्फोटाच्या हुकुमातल्यान ताचें आदलें लग्न रद्द जाले ना  जाल्यार लग्न करपाक मनाय  घाल्या. तशेंच अशा बहुपत्नीत्वाक अशा पीडित बायलांक खूप फावट सहन करचे पडिल्या  प्रचंड त्रासाची दखल घेत लुकसाण भरपाय दिवपाची तरतूद ह्या विधेयकांत केल्या. ह्या विधेयकाक  द आसाम प्रोहिबिशन ऑफ पॉलीगॅमी बिल, २०२५' अशें म्हणतलें. मंत्रीमंडळ बसके उपरांत पत्रकार परिशदेंत उलयतना सरमा हाणी  सांगलें, कि ह्या म्हयन्याच्या 25 तारखेक विधानसभेंत मान्यताये खातीर ते सादर करतले. तशेंच बहुपत्नीत बली पडील्ल्या बायलांक लुकसाण भरपाय दिवपा खातीर सरकार नवो निधी तयार करतले, जाका लागून तांकां आपलें जिवीत चालू दवरपाक कसलीच अडचण येवची ना अशें तांणी सांगलें. आरोपी बहुपत्नीत्वाचो गुन्यांवकार थारल्यार ताका सात वर्सां मेरेन सक्तमजुरीची ख्यास्त जावूंक शकता अशें सरमा हांणी सांगलें.

सिटी 60

टियर-२ आणि टियर-३ शारा मदी शारी गतिशीलता नियोजन आता पासूनच सुरू जावंक जाय अशे,केंद्रीय गृहनिर्माण आणि शारी व्यवहार मंत्री मनोहर लाल खट्टर हाणी म्हणला.

हाका लागुन जेन्ना ही शारा टियर-१ शारी केंद्रांमदी विकसित जातली तेन्ना ती आधीच सुव्यवस्थित आणि फुडारा खातीर सज्ज आसतली. गुरुग्रामात अर्बन मोबिलिटी इंडिया (यूएमआय) परिषद आणि प्रदर्शन २०२५ च्या १८ व्या आवृत्तीच्या समारोप सत्रात उलयताना मंत्र्यान हे सांगले.

चौहान 100

केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान आयज ओडिशाक भेट दितले आनी राज्यांतल्या शेतकारांचें उत्पन्न वाडोवपा खातीर, पोशण सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करपा खातीर आनी सैमीक शेती पद्दतींक चालना दिवपा खातीर म्हत्वाच्या कार्यावळींनी वांटो घेतले. मंडिया दीबासा वा बाजरी दीन कार्यावळीच्या उक्तावण अधिवेशनांत चौहान मुखेल सोयरे आसतले. राज्यांत आनी देशभरांत बाजरीचें उत्पादन, प्रक्रिया आनी वापर वाडोवपा खातीर केंद्रान केल्ल्या उपक्रमांचेर ते उजवाड घालतले. उपरांत कृशी मंत्री कटकच्या सदर वाठाराक भेट दिवन शेतांची पळोवणी करतले आनी शेतकारांकडे थेट संवाद सादतले. तशेंच मुखेल राष्ट्रीय शेतकी उपक्रमांची अंमलबजावणी घटमूट करपा खातीर आयसीएआर - सेंट्रल राइस रिसर्च इन्स्टिटट्यूट हांगा जावपी संयुक्त धोरणात्मक बसकेंत वांटो घेतले

लोकसंख्या 130

२०५० मेरेन देशातली शारी लोकसंख्या ८७ कोटी ६० लाखांपरस चड जातली असो अंदाज आसा अशे गृहनिर्माण आणि शारी व्यवहार राज्यमंत्री तोखन साहू हाणी सांगले. तातुंत सकारात्मक बाबींर उजवाड घालताना साहू हाणी म्हणले की, २०३० मेरेन शार आणि शारी भाग देशाच्या जीडीपीत ७० टक्क्यां परस चड योगदान दितले आणि आर्थिक विकासाचे चालक जातले.

त्यांनी खुलासो केला की, ईशान्य आणि हिमालयीन प्रदेशांक स्वच्छ आणि लवचिक शारी विकासात तेको दिवपाक १००० कोटी रुपयांचो ग्रीन अँड हिमालयीन सिटी फोकस्ड फंड नावाचो निधी तयार करतात. पंतप्रधान आवास योजना-शारी २.० आणि नाविन्यपूर्ण वित्तपुरवठा यासारख्या योजना वरवी सरकार समावेशक परिसर आणि स्वयंपूर्ण शारा बांधपाक काम करता. जलद शारी करणाक लागुन उद्भवपी प्रमुख आव्हानांबद्दल उलयताना, स्वच्छ भारत अभियान कोयर व्यवस्थापनाकडे संबंधित समस्यांचे व्यवस्थापन करू शकता अशे मंत्रयान म्हणले.

भंगार 50

प्रधान मंत्री कार्यालयान शेअर केल्या एके खबरे प्रमाण  फाटल्या महिन्यात केंद्राक भंगार विक्रीतल्यान सुमार ८०० कोटी रुपया मेळल्यात. लेखा प्रमाण फाटल्या महिन्यात स्वच्छता मोहिमे वेळार सरकारान भंगार विक्रीतल्यान ही व्हड रक्कम मेळयल्या. २०२१ त वर्सुकी मोहीम सुरू जाल्यापासून भंगार विक्रीतल्यान सरकाराक जाल्ले एकूण उत्पन्न सुमार ४ हजार १०० कोटी रुपयां मेरेन पावला अशेय या खबरेत म्हणला

स्पोर्ट्स 110

शूटिंगांत इजिप्तांतल्या कायरो हांगा जाल्ल्या दादल्यांच्या 25 मीटर रॅपिड फायर पिस्तूल सर्तींत भारताच्या  अनीश भानवाला हाणें रुप्या पदक मेळोवन ISSF संवसारीक अजिंक्यपद सर्तींत इतिहास रचलो. निमणे होल्डिंगांत अनीशान 28 लक्ष्य गाठली. ह्या उल्लेखनीय कामगिरीन अनीश हो ऑलिंपिक सर्तींत संवसारीक अजिंक्यपद सर्तींत पदक जिखपी पयलो भारतीय वैयक्तीक पिस्तूल नेमबाज थारला

<><><>

पणजे गोंय हांगा सुरु अशील्या 2025 वर्साच्या फिडे बुध्दिबळ विश्वचषक टायब्रेकरांत ग्रॅण्डमास्टर कार्तिक वेंकटरमन ग्रॅण्डमास्टर बोगदान-डॅनियल डीक हाका हारोवन चवथे फेरयेंत पावलो.

पूण विदित गुजराती आनी नारायण एसएल आपआपल्या टायब्रेकर मॅचींत कठीण पराभवा उपरांत भायर पडलो. टायब्रेकरांत गुजराती शंकलँडा कडच्यान हारलो. डी गुकेश आनी अरविंद चिथंबरम हांकांय बेगीन भायर सरचें पडलें

वेदर 40

भारतीय हवामान खात्यान मध्य प्रदेश, छत्तीसगढ आनी झारखंडांत फुडले तीन दीस थंड ल्हारां येवपाचो अदमास दीला. उदेंत राजस्थानांत आयज लेगीत अशीच हवामानाची स्थिती चालू उरतली. फुडल्या दोन ते तीन दिसांत ईशान्य भारतांत उण्यांत उणें तापमान दोन ते तीन अंश सेल्सियस देंवपाची शक्यताय आसा.